## शिक्षक पात्रताय परिक्षा 9 आनी 10 डिसेंबराक

ता. 31 ऑक्टोबर 2025

गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळान शिक्षक पात्रताय परिक्षा 9 आनी 10 डिसेंबर 2025 दिसा सांजेची 3.00 ते 5.30 वरा मजगती घेवपाचे थारायला. ही परिक्षा सीबीटी पद्दतीन उत्तर गोंयांत सेंट झेव्हियर हायर सेकंडरी स्कुल, म्हापशें बार्देस आनी दक्षीण गोंयांत रोझरी हायर सेकंडरी स्कुल, नावेली साश्ट ह्या दोन केंद्राचेर आयोजीत करतले.

पयली ते आठवीच्या वर्गात शिकोवपाक शिक्षक म्हूण नेमणूक जावपाक उमेदवार ही परिक्षा पात्र जावपाक जाय. परिक्षे खातीर 1 ते 15 नोव्हेंबर 2025 मेरेन ऑनलायन अर्ज करपाक जाय. उमेदवारान निवड केल्ल्या संबंदीत परिक्षा केंद्राचेर 5 आनी 6 डिसेंबर 2025 दिसा बायोमॅट्रिक नोंदणी आनी प्रशिक्षण आयोजीत करतले. दिव्यांग उमेदवारांक शुल्क फारीक करचे पडचे ना.

इत्सुक उमेदवारांनी मंडळाच्या www.gbshse.in चेर वेबसायटीचेर उपलब्ध आशिल्ल्या GTET पोर्टला वयल्यान ऑनलायन अर्ज करपाक जाय. अदीक म्हायती वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/838

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.